**Panaji Regional 13th January 2025 7.25am**

**Aqua Goa - 105**

गोंय राज्य पर्यटनाच्या मळार मुखार वचत रावतलें आनी राज्यांत पर्यटकांचो आंकडो वाडत आसा अशे पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हांणी सांगले. ते काल सांजे जाल्ल्या ॲक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यात मुखेल सोमरे म्हूण उलयताले. नुस्तें महोत्सवा सारकिल्ले महोत्सव गोंयच्या पर्यटनाक आनी उद्देगाक उर्बा दिता अशें तांणी सांगले. नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकर हांणी सुवाळ्याची येजमानकी चलयली. निळी अर्थवेवस्था चालीक लावपाक गोंय राज्य मुखार आसा अशें तांणी सांगले. नामनेची मराठी - तमीळ चित्रपट अभिनेत्री श्रृती मराठे हांची ह्या सुवाळ्याक खासा उपस्थिती आशिल्ली. तांचेय ह्या सुवाळ्यांत उलोवप जाले. नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक यशस्विनी बी हांणी उपकाराचे उलोवप केले. १० ते १२ जानेवारी असो तीन दिसाचो नुस्तें महोत्सव काल सोंपलो.

---

**स्वामी विवेकानंद 115 sushant**

भारत देश आणि भारताची संस्कृताय सखोलपणान जाणून घेवची आसल्यार देशांतल्या तरणाट्यांनीं स्वामी विवेकानंद अभ्यासचो असो उलो मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाणी मारला. काल राष्ट्रीय युवा दिसाच्या निमतान मडगावच्या स्वामी विवेकानंद केंद्रान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. मडगांव रवींद्र भवनात हें स्वामी विवेकानंद केंद्र सुरू केलां. थयच काल ही कार्यावळ आयोजीत केल्ली. विवेकानंद हांचे विचार सगळे कडेन प्रसारित करपा खातीर आनी तें वरवीं युवा वर्गांत चैतन्य
निर्माण करपा खातीर गोयांत विवेकानंद विचार प्रसार महामंडळ स्थापन करपाचो प्रस्ताव गोंय सरकारा मुखार दवरला आनी हो प्रस्ताव मान्य जालो जाल्यार राज्यांतल्या युवा शक्तीक ताचो खूब मोठो फायदो जातलो अशें ताणी सांगले. ह्या वेळार रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार आनी हेर पदाधिकारी उपस्थीत आशिल्ले. सुरवेक
स्वामी विवेकानंदांच्या फोट्याक फुलांचीं आर्गां ओंपलीं.

---

**म्हापशें बोडगेश्वर 105**

म्हापशेचो जागृत राखणदार श्री देव बोडगेश्वर देवस्थानाच्या णव्वदाव्या जात्रेची सुरवात आयतारा हजारांनी भक्तांच्या उपस्थितीन उमेदीन जाली. ही जात्रा सप्तकभर आयतार 19 जानेवारी मेरेन चालू उरतली.

दनपारां 12 वरांचेर देवाच्या पायांकडेन श्रीफळ दवरून आनी पुरोहितान गाऱ्हाणें घाल्या उपरांत जात्रेक सुरवात जाली.

जात्रेच्या पुजेची येजमानकी देवस्थान समितीचे अध्यक्ष आनंद भाईडकार आनी तांचे घरकान्नीन केली ह्या निमतान म्हापशें वाठारांतल्या वेगवेगळ्या देवस्थानांनी, वेगवेगळ्या संघटनांनी, पुलीस, उजो पालोवपी दळ आनी नगरपालिकांनी देवाच्या पांयांकडेन फळांचो प्रसाद अर्पण केलो.शिवोलीच्यो आमदार दिलायला लोबो, नगराध्यक्ष डॉ. नूतन बिचोलकार, उपनगराध्यक्ष सुशांत हरमलकार, उप-पुलीस अधीक्षक संदेश चोडणकार, निरिक्षक निखिल पालेकार, सूरज गांवस, विजय राणे, मार्लन डीसोझा, तशेंच वेगवेगळे सरकारी अधिकारी आनी भौशीक फुडाऱ्यांनी

बोडगेश्वर देवाचें दर्शन घेतलें.

---

**मडगाव कोमुनीदाद समितीचे सावीयो कुर्रय अध्यक्ष - 65**

मडगाव कोमुनीदाद संस्थेची २०२५ ते २०२८ या काळा खातीरची नवी समिति काल बिनविरोध वेचून काडली. या वेळार अध्यक्ष म्हणून सावीयो कुर्रय हांका वेचून काडले. वेचणुक अधिकारी म्हणून रोहन नाईक हे हाजिर आसले
हेर समिती अशी: भांडारी जिजस गोम्स, एटर्नी सेलेस्टिनो
नोरोन्हा, जाल्यार उप समितीचे अध्यक्ष म्हणून गिनो कुलासो, एटर्नी म्हणून फ्रांझ शुबर्ट कोता जाल्यार भांडारी म्हणून जुआव झेवियर मिरांडा हांका बिनविरोध वेचून काडले.

---

**कोंकणी भाशा मंडळ 80**

कोंकणी भाशा मंडळा वतीन आयज 13 जानेवारीक सांजेच्या 4.30 वरांचेर मडगांवच्या रविंद्र भवनांत यादींचो कुरपणो ह्या अड़ उदय भेंब्रे हांच्या कोंकणी भाशीक चळवळींतल्या उगडासांचेर आधारीत पुस्तकाचें

प्रकाशन जातलें. ह्या वेळार अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष फादर मावजीन्य द आताईद तशेंच लेखक आनी समिक्षक प्राद्यापक डॉ भुषण भावे, पुस्तकाचेर उलोवपी लेखक आनी शिक्षक अनंत अग्नी आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले.हे कार्यावळीक मुजरत हाजीर रावचें असो उलो कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार आनी सचिव मंगलदास भट हांणी
मारला.

---------------------------------------------------

**फेरतपासणीः दरेका प्रस्नाक आतां 100 रुपया ! - 50**

धावी आनी बारावेचे परिक्षेक बसपी विद्याथ्यांक निकाला उपरांत पेपराची परतून तपासणी करपाची आसल्यार आतां दरेका प्रस्ना खातीर 100 रुपया मेजचे पडटले. हे आदीं पुराय पेपर परतून तपासपा खातीर 700 रुपया घेताले. पूण आतां फेरतपासणी खातीर 100 रुपयांचें शुल्क घेतले, अशी म्हायती गोवा बोर्डाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्येहांणी पत्रकारां कडेन उलयतना दिली.